## हर घर तिरंगा सर्तीचो निकाल जाहीर

ता. 19 सप्टेंबर 2022

गोंय सरकाराच्या माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यान हर घर तिरंगा सर्तीचो निकाल जाहीर केला.

भारताच्या स्वतंत्रतायेच्या 75 व्या वर्सा निमतान राज्यांतल्या प्रत्येक कुटुंबाक आपल्या घराचेर राष्ट्रीय बावटो हुबोवपाक प्रोत्साहित करपाखातीर भारत सरकारान 13 ते 15 ऑगस्ट 2022 ह्या काळांत सुरू केल्ल्या "हर घर तिरंगा" मोहिमेचो एक भाग म्हूण ही सर्त आयोजीत केल्ली.

खात्याक आपल्या विंगड विंगड सोशल मीडियाच्या माध्यमांतल्यान सर्तीक भरपूर प्रतिसाद मेळ्ळो.

हर घर तिरंगा सर्तीचो निकाल फुडलेप्रमाण- सर्तीचे पयले 7,500/- रूपयांचे इनाम श्री. अक्षय अमृत वळवईकर, सर्तीचे दुसरे 5000/- रूपयांचे इनाम श्री. शरद पाटील आनी तिसरे 3000/- रूपयांचे इनाम कु. स्नेहा पै लोटलीकर हांका फावो जाला.

उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 2000/- रूपयांचे इनाम श्री कुंदन कश्यप, कु. रंजना मळीक, श्री चेतन मडकईकर, कु. कल्पिता योगेश पोतदार आनी कु. सान्वी गावस हांका फावो जाला.

हर घर तिरंगा" सर्तीच्या जैतवंतांक माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन 16 नोव्हेंबर 2022 दिसा आयोजीत करपात येवपी राष्ट्रीय पत्रकार दीस कार्यक्रमात इनामां भेटोवपात येतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/549

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji